
देखदिण्यो काणयो



के. राधा

ओरिएंट लाँगमन लिमिटेड

रजिस्टर्ड ऑफिस

३-६-२७२ हिमायतनगर, हैद्राबाद ५०० ०२९

हेर ऑफिसां

कामाणी मार्ग, बॅलार्ड इस्टेट, मुंबय ४०० ०३८

१७ चित्तरंजन ॲव्हेन्यू, कलकत्ता ७०० ०७२

१६० अण्णा सलाय, मद्रास ६०० ००२

१/२४ असफली मार्ग, नवी दिल्ली ११० ००२

८०/१ महात्मा गांधी मार्ग, बंगळूर ५६० ००१

३६५ शहीद नगर, भुवनेश्वर ७५१ ००७

४१/३१६ 'गौर मोहन' अंबाडी लेन, चित्तूर रोड, कोचीन ६८३ ०११

एस. सी. गोस्वामी-रोड, पानबझार, गुवहाटी ७८१ ००१

३-६-२७२ हिमायतनगर, हैद्राबाद ५०० ०२९

२८/३१, १५ अशोक मार्ग, लखनौ २२६ ००१

सिटी सेंटर अशोक, गोविंद मित्र रोड, पाटणा, ८०० ००४

ISBN 81 250 0227 8

कव्हर : एच. एम. वैद्य

टायपसेट : ओमेगा एन्टरप्राइझेस, मडगांव ४०३६०१

छापपी : बिंदु आर्ट, मुंबय ४०० ०११

उजवाडावपी : ओरिएंट लाँगमन लिमिटेड,

बॅलार्ड इस्टेट, मुंबय ४०० ०३८

देखदिण्यो काणयो

मूळ बरोवपीः

के. राधा

अणकारपीः

मनोहर पै-धुंगट

ओरिएंट लाँगमन

मांडावळ

१ तीन वर

एका अटंग्य रानांत लांकडां फोडून आनी जळोव विकून पोट भरपी एक मनीस आनी ताची बायल खोंप बांदून रावतालीं. सकाळच्या पारार तो मनीस लांकडां सोदूंक आनी जळोव पुंजावंक रानांत भोंवतालो. सांजेच्या पारार जळोव घेवन तो लागसारच्या गांवांत वतालो, बाजारांत तो विकतालो आनी पोटाक कितें मेळटा तें घेवन येतालो. तशें ताचें काम खऱ्यांनी कश्टांचें आसलें.

एक फावट तो दनपारच्या कडार झाडामुळा सावळेक बसून आपणाली भुती सोडोवन खायत बशिल्लो. इतल्यांत ताची नदर झाडाचेर गेली.

"अब्बा, हें झाड बरेंच व्हड आसा. ताच्यो खांदयो पळय चोंय वाटांनी पातळ्ळयात. म्हाका त्यो कातरपाक भोव बऱ्यो मेळटल्यो."

इतलें म्हणून तो उठलो आनी आपणाली धारेची कुराड ताणें उबारल्या मात, झाडान व्हडलो सुस्कारो सोडलो. इतलो व्हडलो... त्या सुस्काऱ्यान झाडाच्यो खांदयो हालतात धोलतातश्यो जाल्यो आनी त्याच वेळार आवाज आयकूंक आयलो.

"म्हजें झाड कोण रे तो कातरता? पयलीं कातरप थांबय."



हें आयकनाफुडें मनश्याच्या हातांतली कुराड गळून सकयल पडली. भियेवन ताची गुळी जाली. थोड्या वेळा उपरांत ताका वाचा फुटलीः

"तूं रे कोण? खंयसर लिपून बसलाय?"

"आगा, सभाग्या, हांव तुका कसोच दिसपाचो ना. हांव आसां एक यक्ष. हांव ह्या झाडाचेर रावतां. ह्या रानांत आनी जायतीं झाडां आसात. म्हजें घर आशिल्लें हें झाड तूं कातरूं नाका." परतो आवाज आयलो. "म्हाका जळोव तर जाय," मनशान म्हळें. "हो जळोव हांव विकतलों; येता त्या पयशांनी म्हाका आनी म्हजे बायलेक जाय ते पोटाखातीर गोटे हाडटलों." इतलें म्हणून ताणें कुराडीक हात घालो आनी वयर उबारली.

"झाडाक हात लावं नाका! तुजेलागीं मागतां," यक्षान म्हळें.

"पूण म्हाका तर जळोव जाय," मनशान सांगलें.

"मातसो राव. हांव तुका तीन वर दितां. तुका जाय तें मागून घे. झाडाक हात लावं नाका." यक्षान म्हळें.

मनशान मातसो विचार केलो आनी म्हळें, "बरें तर, हांव झाडाक हात लायना."

"तुका तिनूच वर आसात हें बरे भाशेन मतींत धर", यक्षान शिटकावणी दिली.

मनशाक खोस जाली. तसोच धांवत, पळत तो घरा आयलो. बायलेक केन्ना काय सगळें सांगताशें ताका

जाल्लें. तीन वर मेळिल्ल्याची गजाल आयकून तिकाय खूब खोस जाली.

रांदनीर पेज दवरलेली ती सकयल काडटना ती येवजूंक लागली. कितें कितें मागून घेवचें?

व्हडलेंशें घर? भांगराच्यो वस्ती? सेदाचीं लुगटां?

पेज घेवन ती घोवासरीं आयली. बेजारून तो तिच्या आंगार आयलो. "सदां उठून पेज आनी आंबली, ना जाल्यार भाकरी आनी लोणचें. ह्या परस आनीक कांय मेळपाचें ना? हांव मागतां... हांव मागतां ह्या घरांत तरेतरेचीं गोड गोड पक्वान्नां मेळचीं."

इतलें ताणें म्हळां मात, आनी कितें सांगतलो? घे म्हणून पक्वान्नां वयल्यान सकयल पडलीं.

"अब्बा रे अब्बा! हांव हें पोटभर खातलों. आगे, ताट घेवन यो पळोवंया." बायलेक ताणें आपयली.

"ताट शें कित्याक?" बायलेन भायर येत म्हळें आनी सगळेकडेन शिंवरलेलीं पक्वान्नां पळयत रावली. एक वर फुकट गेल्लो; आतां बाकी दोन उरले. तिका मातसो राग आयलो. "सगळें सोडून पक्वान्नां कित्याक मागलीं? एक वर वगडायलो ना तुमी?" तिच्या रागाचो पारो एकदम चडलो. तिणें म्हळें, "हांतलें एक गोड हालव्याचें काप तुमच्या नाकाक वचून दसूं'

इतलें तिणें म्हळां मात, एक काप पुट्टकरून वचून मनशाच्या नाकाक दसलें. तें अशें दसलें, कशेंच सुटना



जालें. ताणें मान हालयली. काप ओड ओड ओडलें उपरांत बायलेन ओडलें. काप तशेंच नाकाक दसून उरलें. घरभर ताणें उडक्यो मारल्यो, पूण काप कशेंच निखळना.

आतां ताका भिरांत दिसपाक लागली. तो व्हडल्यान आड्डलो. "हांव मागतां, हांव मागतां हें काप गळून पडूं."

काप खऱ्यानीच गळून पडलें आनी त्याच वेळार घोव

बायलेक एक सान् आवाज आयकूंक आयलो,

"तुमचे तीन वर सोंपले गया."मनशान काकुळटेन बायलेकडेन पळयलें आनी तकली हालयली. आनी म्हळें,

"चल, म्हजी पेज आनी आंबली घेवन यो."

तो सवकासायेन निवळ पियेलो.

अशे तरेन तीन वरांची वासलात लागली.

❄

२ काळो सोरोप आनी बुदवंत कावळो

एका अटंग्य रानांत एक व्हडलो वड आशिल्लो. त्या वडाचेर कावळयाचें एक जोडपें रावतालें. तांणी वडाच्या खांदयांचेर घोंटेर बांदलो.

त्या घोंटेरांत कावळिणीन तांतयां घालीं. कांय दिसां उपरांत ल्हान पिलां तांतयांतल्यान आयलीं. कावळेमाम आनी कावळीण तांकां खावंक घेवन येतालीं. हीं पिलां इल्लीं इल्लीं करून घटमूट जालीं. तांकां पांखां फुटलीं. तीं उडूंक शिकलीं. आनी एक दीस पयस गेलीं. कावळेमाम आनी कावळीण वडारूच घर करून रावलीं.

एक दीस एक व्हडलो काळो सोरोप वडाकडेन आयलो. ताका थंय बरी धोल दिसली. तातूंत तो रावंक लागलो. वसंत ऋतू आयलो. कावळयान सुक्यो काटक्यो पुंजावन घोंटेर सारको केलो. कावळिणीन तातूंत तांतयां घालीं. थोड्या दिसांनी सान पिलां भायर आयलीं. कावळेमामाक आनी कावळिणीक खूब खोस जाली. पिलांचेर तीं खूब माया करतालीं. तीं दोगांय सकाळ जायनाफुडें पयस उडून वतालीं आनी सांजे वेळार पिलांक खाण घेवन परततालीं. कुलकुलाट करून पिलां तांणी हाडलेलें खाण खावन उडयतालीं.

अशे दीस वताले. एकदां दनपारच्या वेळार काळो सोरोप बिळांतल्यान भायर आयलो आनी वडाचेर

चडलो. घोंटेरांत कावळयाचीं स पिलां पळोवन ताच्या तोंडाक उदक सुटलें. तो घोंटेरांत गेलो. पिलांक बाबड्यांक पांखां फुटूंक नाशिल्लीं आनी उडूंक येना आशिल्लें. एक एक करून सगळया पिलांक सोरपान गट्ट केलीं.

सांजच्या वेळार कावळो आनी कावळीण परत यो जाल्यार घोंटेर रितो दिसलो. तांचेर कोण आकांत आयलो. पिलां खंय पावलीं काय? हे वटेन पळयलें, तेवटेन पळयलें; खंयूच दिसनात. तांकां वायट दिसलें.

कांय म्हयने गेल्याउपरांत कावळिणीन परतीं तांतयां घालीं. ती रवाळणेक बसली आनी थोड्या दिसांनी पिलां भायर आयलीं. कावळेमामान आनी कावळिणीन पिलांक खावंक हाडपाक वड सोडून वचचें आनी सांजे वेळार परतुचें. एक दीस परत यो जाल्यार घोंटेर रितो. पिलांचो पत्तो नाशिल्लो. तांणी काव काव करून बोवाळ केलो. सरभोंवतणी उडून पळयलें. इतल्यांत कावळेमामाची नदर धोलींतल्यान भायर आयिल्ले सोरपाचे शेपडेकडेन गेली आनी तांकां कितें जालें तें कळळें. “आतां म्हाका कळळें, हो काळो सोरोप धोलींतल्यान वयर येवन आमचीं पिलां चट्टमट्ट करता!” ताणें म्हळें.

“आमी कितें करतलीं? आमच्यांनी त्या पाड्या सोरपाक मारूंक कांय जावचें ना!” कावळिणीन म्हळें.

कावळेमामान विचार केलो आनी म्हळें, "म्हाका एक येवजलां; पळोवया कितें जाता तें!"

दुसऱ्या दिसा तो उडत उडत राणयेचे बागेंत गेलो. ही बाग म्हळयार बरीच सोबीत आशिल्ली. ते बागेंतल्यान एक सुंदर व्हाळ खळखळ करून व्हांवतालो. थंयच्या एका झाडाचेर कावळेमाम बसून रावलो. थोड्या वेळान राजकन्या आपणाल्या मैत्रिणींवांगडा बागेंत आयली. तीं सगळीं खेळटालीं, बागडटालीं. राजकन्येक व्हाळांत न्हायन दिसलें. एके चलयेन सकयल कपडो पातळायलो. राजकन्येन आपणाल्या गळयांतलो भांगराचो हार काडून ताचेर दवरलो. आंगार आशिल्ल्यो हेर वस्तीय काडून दवरल्यो आनी मागीर ती उदकांत देंवली. तिच्या फाटल्यान मैत्रिणी उदकांत देंवल्यो. आनी मजेन तांचें न्हावप सुरू जालें.

कावळेमाम झाडावयल्यान सगळें पळयतालो. ताणें सकयल झोंपय मारली आनी दिस्त राजकन्येचो भांगरा हार चोंचींत धरलो आनी उडत गेलो. राजकन्या आनी मैत्रिणींच्या तें लक्षांत आयल्याबराबर तांणी बोवाळ केलो. कावळया फाटल्यान कांय जाणां धांवलीं. कावळो पयस पयस वतालो. लांकडां फोडपी कांय मानाय तांकां दिसले. तांकां तांणी जाल्ली गजाल सांगली. हार परत मेळ्ळो जाल्यार राणयेकडल्यान बक्षीस मेळटलें म्हूण सांगलें.





मानायांनी कावळयाच्या तोंडांत चकचकीत हार पळयलो. कावळे उडटा ते दिशेन ते धांवले. कावळो येवन वडाच्या झाडार बसलो. सगळीं जाणां थंय पाविल्लीं. कावळयान वेळ सादून तो हार दिस्त सोरपाचे धोलींत पडटा असो उडयलो. आनी तो वचून घोंटेरा म्हन्यांत बसलो. मानाय धोलीम्हन्यांत आयलो. धोलींतल्या सोरपान फोंस् केलें. एका मानायान कुराडीन ताचेर घाय केलो आनी सोरोप मरून पडलो. राजकन्येच्यो मैत्रिणी मुखार सरल्यो आनी चकचकीत भांगरा हार तांकां थंय दिसलो. तो घेवन तीं राजकन्येकडेन गेलीं. राजकन्या खोशी जाली. आपणालो दुस्मान मरून पडिल्लो पळोवन कावळेमामाक आनी कावळिणीक खोस जाली.

घोंटेर सारको केलो आनी कावळिणीन परतीं तांतयां घालीं. पिलां भायरं आयलीं. काळया सोरपाची भिरांत आतां उरूंक नाशिल्ली. कावळेमाम आनी कावळीण पिलां वांगडा बरीं करून वडाचेर रावलीं.

❋

३ सूर्य आनी वारो

सूर्याचें आनी वाऱ्याचें एक फावट व्हडलें झगडें जालें. वाऱ्यानूच पयलीं सूर्याची कळ काडली. आपणाले शक्तीचो ताका गर्व जालो. तो सूर्याकडेन गेलो आनी ताणें म्हळें, "हांव सर्वशक्तीमान आनी बळिष्ट आसां" सूर्यान जाप दिली, "हांवूयबी सर्वशक्तीमान आनी बळिश्ट आसां.

"तूं कसलो शक्तीमान?" वाऱ्यान म्हळें.

"तूं कितें सांगतलो! हांव आसांच शक्तीमान" सूर्यान जाप दिली. त्या उतराक वाऱ्यान म्हळें, "हांव वचत थंय आसां. म्हजो प्रवास चार दिकांनी जाता. तूं सगळेकडेन खंय पावता?"

"हांव उज्याचो व्हडलो गुळो आसां तें तुका खबर ना दिसता? हांव प्रचंड आसां हें तूं नकळ?" सूर्यान विचारलें.

"हांव चड वेगान भोंवतां" - वारो.

"हांव चड हून आसां" - सूर्य.

वाऱ्यान फुडें म्हळें, "हांव जोराजोरान व्हांवतां. घरां आनी झाडां-पेडां म्हज्या श्वासा बरोबर खाला पडटात. व्हडलीं व्हडलीं तारवां म्हजे फुंकेन दरयांत खंयचे खंय पावतात. केन्ना केन्नाय हांव तीं फोडून लेगीत उडयतां. मळबांत कुपां भोंवतात तीं म्हाका लागून आनी धर्तरेचेर

पावस पडटा तोय म्हाका लागून. कांय गिरणी म्हजे मदतीन चलतात. हांव सगळयांपरस व्हड हें मानपाकूच जाय."

सूर्यान जाप दिली. "आगा, तूं झाडां हुमटावन उडयता आसशीत. पूण तीं वाडटात म्हाका लागून. म्हज्या उजवाडाक लागून तीं पाचवींचार जातात. आनी ताका लागून जियेतात. शेतांत धान्य पिकता तें म्हाका लागून, समजलें? सूर्य ना जाल्यार झाडां, फुलां, फळां, भाजी-पालो, कांयच मेळचें ना. मनशां आनी जनावरां, खावंक कांयच नाशिल्ल्यान मरून वतलीं. आतां मातशें सांग पळोवया, तूं व्हड काय हांव व्हड?"

"तें पळोवचें पडटलें," वाऱ्यान म्हळें. इतल्यांत ताचें लक्ष सकयल्यान कोट घालून वतल्या मनशाकडेन गेलें. सूर्याक ताणें म्हळें, "त्या मनशाकडेन पळय, हांव म्हजे शक्तीन ताका आंगांतलो कोट काडपाक लायतां. तूं तशें करशीत जाल्यार तूं व्हड, मागीर जालें?"

सूर्यान वाऱ्याक पयलीं सुरवात करूंक सांगलें. वाऱ्यान जोराजोरान मनशावटेन व्हांवपाक सुरवात केली. थंड वाव सुटलो. मनशान कोट आंगाभोंवतणी ओडून घेतलो. जसजसो वाऱ्यान जोर केलो, तसतशी थंडी वाडली. मनीस कुडकुडूंक लागलो. कोटाचे बुतांव ताणें घाले. "कितें बाबा हें वारें सुटलां!" अशें म्हणत ताणें कोट सारको गुठलावन घेतलो. वाऱ्यान आनीक जोर





केलो. मनशान दोनूय हातांनी कोट घट्ट धरून दवरलो आनी पयलीं परस तो अदीक नेटान, झपझप करून चलूंक लागलो. एक दोनदां बाबडो निसरून सकयल पडलो.

वारो जिखलो ना. आतां सूर्याची पाळी आयली. तो कुपांआडसून भायर सरलो आनी कडक वत आयलें. वाटेन वतल्या मनशाक गरम जावंक लागलें. "कितलो बदल जालो पळयात. कोण हो रखरख!" मनशान म्हळें.

सूर्य हांसूंक लागलो; त्या बराबर आनिकूय वत आयलें. "हो रखरख सोसूं नज बाबा! हो कोट आनी कित्याक जाय? अशें म्हणत तो रस्त्याचे कुशीक दवरण्यार बसलो आनी आंगांतलो कोट काडून घाम पुसूंक लागलो.

"मनशान आंगांतलो कोट काडलो; हांव जिखलों! तूं हरलो गया! कूय कूय," सूर्यान म्हळें.

वारो कितें उलयतलो? राग मनांतल्या मनांत दवरून तो दोंगरावटेन तोंड घेवन गेलो.

सूर्य मळबांतल्यान हुनहुनीत आनी मोगाचीं किरणां धर्तरेर सोडीत रावलो.

❈

४ बकें आनी कुल्ली


हो दोंगर ते तो दोंगर मेरेन रानूच रान आशिल्लें. रानाचे मदेकात एक तळें. तळयांत जायतें ल्हान नुस्तें. तळया-बांदार रावताली बेबकां आनी कुल्ल्यो.

एक बकें नित्य-नेमान ह्या तळयार येतालें. उदकांत उबें रावन आपले लांब चोंचीन म्हऱ्यांत येता तें ल्हान नुस्तें उबारतालें. नुस्तें म्हऱ्यांत येता म्हणसर एका पांयार ध्यान करूंक उबें राविल्लेभाशेन ताणें रावप. तळयांत जायतें नुस्तें आशिल्ल्यान बक्याक पोटभर खावंक मेळटालें. रूच येता तेन्ना बक्यान कुल्ल्यो अचळय धरून खावच्यो.

करतां करतां हें बकें सामकें म्हातारें जालें. लागीं आयिल्लें नुस्तें ताका झळकना जालें. नुस्तें धरूंक ताका साप्प जमना जालें. उपाशीं रावपाचें ताच्या नशिबांत आयलें.

हांतल्यान वाट कशी काडप? विचार कर कर केलो आनी ताणें एक युक्ती सोदली. गिमाचे दीस आशिल्ले; तळयांतलें थोडें उदक आटिल्लें, थोडें उरिल्लें.

बकें तळयांत गेलें आनी सदांचे सारकें एका पांयार उबें रावलें. मान बागोवन आपणाली चोंच उदकांत बुडय बुडय बुडयली. खूब वेळ अशें चलिल्लें. तें सामकें निर्शेलें. नुस्तें, कुल्ल्यो, बेबकां ताचे कडेन पयशिल्यान



पळयतालीं. तांणीं म्हऱ्यांत वचून पळयलें. बकें हालना, धोलना. एके कुल्लेन धीर करून म्हऱ्यांत वचून ताका विचारलें, "तुजें कितें जालां? तूं इतलें निर्शेलां कित्याक? म्हातारपणांत तुवें नुस्तें खावपाचें सोडून दिलां काय कितें?"

बक्यान जाप दिली, "ह्या तळयाचेर हांवें म्हजी सगळी जीण घालयली. हांव ह्या तळयाचेर कितलो मोग करतां म्हणून सांगू? पूण आज परिस्थिती अशी आयल्या पळय. हें तळें सुकून वचचे कडेन पावलां. उदक ना जाल्यार नुस्तें, बेबकां, कुल्ल्यो मरून वतल्यो. म्हाका कोण सांगाती उरचे नात. हांव मागीर ह्या तळयाकडेन कित्याक येतलें?"

ताचें हें उलोवणें सगळया नुस्त्यांमेरेन पावलें. तांकां भिरांत दिसली. उदकूच जर ना जालें तर आपूण मरून वतलीं अशें नुस्त्यांक दिसलें. बक्याक तांणी विचारलें,

"तुवें खंय वचपाचें चिंतलां?"

"म्हजो हुस्को तुमी करूं नाकात. म्हाका पांखां आसात. हांव उडून जाय थंय वचन. पयस रान सोंपता थंय आनीक एक तळें आसा. थंय उदक घे म्हणून आसा. हांव थंय वचन. पूण म्हाका हांगा रावप आवडटा," बक्यान म्हळें.

"बकेंबाय, आमकांय त्या तळयार घेवन वच," नुस्त्यांनी आनी कुल्ल्यांनी एका बराबर म्हळें. बक्यान

म्हळें, “बरें तर, हांव अशें करतां, दिसपट्टें एकएकटयाक व्हरून थंय सोडटां. कांय दिसांनी तुमकां सगळयांक थंय एकठांय रावंक मेळटलें.”

सगळया नुस्त्यांक ही सुचोवणी भोव मानवली. दुसऱ्या दिसाच्यान दर एका नुस्त्यान आपूण जावन बक्याम्हन्यांत येवचें आनी ताणें तें चोंचींत उबारचें आनी उडून वचचें. बकें तें नुस्तें दुसऱ्या तळयांत बी व्हर नाशिल्लें. दोंगरार एका फातरार बसून खावन उडयतालें. ताका सदां नुस्तें खावंक मेळूंक लागलें. तळयांतल्या नुस्त्याचो बक्याचेर विस्वास आशिल्लो. आपणाले लोक बऱ्या तळयांत पावले, आपुणूय रोखडेच थंय पावतले अशें ते चिंतताले.

एक दीस एक कुल्ली बक्या म्हन्यांत गेली आनी खबर घेवंक लागली, ‘बकेबाय, बकेबाय तुवें व्हेल्लें हांगाचें नुस्तें दुसऱ्या तळयांत कशें आसा?”

“कितें विचारता! तीं सगळीं व्हडल्या तळयांत मजेंत आसात,” बक्यान जाप दिली.


“तशें जाल्यार म्हाकाय तांच्या म्हन्यांत घेवन वच,” कुल्लेन विनंती केली. कुल्ली मेळटली हें मनांत येवन बक्याक खोस जाली.

“बरें आसा तर, चल, यो म्हज्या वांगडा,” अशें म्हणून बक्यान कुल्ली उबारली, चोंचींत घेतली आनी उडूंक लागलें. “मात सवकासायेन वच,” कुल्लेन म्हळें.

बकें उडत उडत दोंगरा म्हन्यांत पावलें. कुल्लेक तळें खंयच दिसना. एक व्हडलो फातर मात दिसलो आनी भोंवतणी पळय जाल्यार नुस्त्याचे कांटे. आपणालें कितें जातलें तें कुल्लेक बरे भाशेन समजलें. बक्याक कुल्ली खावपाची रूच आयिल्ली. केन्नाकाय खायन जाल्लें. बकें बेगिबेगीन उडटालें "म्हाका तुजे चोंचीन घट्ट आंवळूं नाका. मात सवकासायेन वचुंया. हांव मात चोंचींतल्यान भायर सरतां. म्हाका बरें दिसतलें. हांव सामकी निर्नळून गेल्यां," कुल्लेन म्हळें.

थोड्या वेळान कुल्लेच्या दांग्यांतलें मांस खावंक मेळटलें तें बकें येवजितालें. ताणें चोंच मातशी सदळ सोडली. कुल्ली ल्हवू ल्हवू मुखार सरली आनी कशी तरी बक्याचे मानेकडेन पावली. थंय पावनाफुडें आपणाल्या दांग्यांनी बक्याची मान आंवुळळी. बक्याक सुमाराभायर दुखूंक लागलें. ताणें पांखां फडफडायलीं, चोंच उकती दवरली. कुल्लेन सगळी शक्ती लावन मान आंवळूंक सुरवात केली. बक्यान पांखां फडफडाय फडफडाय फडफडायलीं आनी तें फातरार मरून पडलें.

कुल्ली कशीतरी करून परत तळयाकडेन पावली. नुस्त्यान, बेबकान आनी हेर कुल्ल्यांनी ते कुल्लेक परत येतना पळयली. तांकां सगळयांक अजाप जालें. बकेंबाय बराबर गेल्ली ही कुल्ली बरें तळें सोडून परत कित्याक आयली? कुल्लेन घडिल्ली सगळी गजाल सांगली.



बक्याचेर विस्वास दवरिल्ल्यान नुस्त्याचो कसो घात जालो हें सांगलें. आपणें प्रसंग वळखून बकेबायची गची कशी आंवुळळी तेंय सांगलें. सगळयांकूच गजाल आयकून व्हड अजाप जालें. ल्हानशे कुल्लेन लांब दोक्याच्या बक्याक बुद्द शिकयल्ली आनी तांचो जीव वाटायल्लो!

थोड्या दिसांनी पावस आयलो. आसा तशें तळें उदकान भरून गेलें. त्या तळयांत नुस्तें, बेबकां आनी कुल्ल्यो सगळीं सुखा समाधानान रावंक लागलीं.

❋

५ भांगराची कुराड

लांकडां फोडपाचें, जळोव पुंजावपाचें बी काम करपी एक मानाय रानांत खोंप उबारून रावतालो. ताचो दिसाचो नेम म्हळयार रानांत वचप आनी सांजवेळमेरेन लांकडां जमोवप. तीं व्हरून जळवाक विकप आनी मेळटा त्या पयशांनी पोटाक जाय ते गरजेचे जिनस घेवन येवप.

हो मानाय सरळ मनाचो आनी सत्यान चलपी आसलो. आपूण बरो आनी आपलें काम बरें असो ताचो सभाव. तो गरीब आशिल्लो. आंगार घालपाक धड लुगटां नाशिल्लीं. पोरण्या आंगाच्यांक बोंते पडिल्ले. ताची सगळी संपत्ती म्हळयार ताचेकडेन आशिल्ली धारेची तिख्याची कुराड. कुराडीक गुळगुळीत बरो दांडो आशिल्लो. ती कुराड म्हळयार ताचें पोट भरपाचें साधन.


एक दीस तो रानांत पयस गेलो आनी न्हंयचे देगेर पावलो. बांदार एक व्हडलें झाड आशिल्लें. ताचे खुबशे खांदे सुकिल्ले आनी कातरपाक योग्य आशिल्ले. ते कातरपाक म्हूण तो वयर चडलो आनी ताणें घाय घालपाक कुराड उबारल्या मात, दांड्यांतल्यान तिख्याचें पातें सुटून उदकांत पडलें आनी उदक घसांयच करून वयर उसळळें. मानायान कपलार हात मारलो. “आतां



हांव कितें करूं? उदकांतल्यान कुराड म्हाका कशी काडूंक मेळटली?" तो सकयल देंवलो आनी विचार करीत झाडामुळांत थपकल मारून बसलो. तो सामको रडकुळयां आयिल्लो.

मानायाचें दुःख न्हंयंतल्या देवाक कळ्ळें. ताका काकुळट दिसली. ताणें प्रगट जावन मानायाक विचारलें, "तूं रडटासो कित्याक? तुका कितें जाय तें म्हाका सांग." मानायान कितें घडलां तें रडत रडत सांगलें. "म्हजी कुराड म्हळयार म्हजो जीव. तिचेबगर हांव कितें करतलों?" हुडक्या हुडक्यांनी तो रडूंक लागलो.

देवान न्हंयंत उडी मारली आनी थोड्या वेळान कुराड घेवन तो वयर आयलो. ती कुराड भांगराची आशिल्ली. ताणें ती मानायाक दिली आनी विचारलें, "ही तुजी कुराड?" मानायान मान वयर करून जाप दिली, "देवा सायबा, ही म्हजी कुराड न्हय." देवान ती कुराड उदकांत उडयली आनी आसा तशी बुडकी मारून दुसरी हाडली. "ही घे तुजी कुराड," देवान म्हळें. मानायान तकली हालयली, "ही म्हजी कुराड न्हय." देवान काडिल्ली कुराड रुप्याची आशिल्ली. ती ताणें उदकांत उडयली आनी परत एक फावट बुडकी मारली. हे फावट मानायाची तिख्याची कुराड घेवन तो वयर आयलो. "देवा सायबा, हीच म्हजी कुराड," खोशयेन उडी मारीत मानायान म्हळें. "म्हाका ती परत मेळ्ळी



जाल्यार उपकार जातले.” देवान ताका ताची कुराड परत दिली आनी म्हळें, “तूं उजू वाटेन चलपी प्रामाणीक मनीस. जें आपलें न्हय, ताची वान्सा तुका ना. देखून तुका हांव तिनूय कुराडी दितां. भांगराची, तिख्याची आनी खासा तुगेली. तुका आतां बरे दीस येतले. तूं गरीब उरचो ना.”

❋

६ चार जिवाभावाचे इश्ट

एक आशिल्लें व्हडलें सोबीत रान. त्या रानांत आशिल्लें एक तळें. तळयाचे भोंवतणी पाचवीं चार ल्हान-व्हड झाडां. थोडींभोव फुलझाडांय दिसतालीं. अशा वातावरणांत रावताले एकामेकांच्या जिवाक जीव दिवपी चार इश्ट. ते म्हळयार एक हुंदीर, एक कावळो, एक कांसव आनी एक हरण. हुंदीर ल्हानसोच आनी गोबरा रंगाचो आशिल्लो. ताचे दांत सुळे कशे आशिल्ले आनी ताची शेपडी लांब आशिल्ली. तो तळयाच्या बांदावयल्या झाडा लागसार बिळांत रावतालो. ताचें नांव हिरण्यक अशें आशिल्लें. झाडार काळो कुळकुळीत कावळो रावतालो. ताचें नांव लघुपतनक. कांसव तळयांत रावतालो. ताचें नांव आशिल्लें मंथरक. आंगार धवे थिपके आशिल्लें हरण रानांत सगळेकडेन भोंवन तळयार उदक पियेवंक येतालें. ताचें नांव आशिल्लें चित्रांग.

ह्या चौगांयची दाट इश्टागत जमिल्ली. आनी ते दनपारच्या वेळार झाडाचे सांवळेक बसून गजाली करीत वेळ घालयताले. एक दीस गजालींच्या वेळार चित्रांग हरण आयलें ना. आमची इश्टीण आज खंय पावली काय? हुंदराक, कावळयाक आनी कांसवाक प्रस्न पडलो. ते ताका राव राव रावले. चित्रांगाचो पत्तो ना.



तांकां हुस्को जालो. "शिकार करपी कासादोरान ताका धरलो बी ना मूं?" हुंदरान दुबाव व्यक्त केलो. मंथरक कांसवान म्हळें, "मित्रा, लघुपतनका, तूं मातसो बेगीन उडत उडत वचून चित्रांग खंय दिसता काय पळय." "पळयतां" अशें म्हणून कावळो जो उडलो, तो बद्द रानाचे दुसरे वाटेन पावलो. थंय एका व्हाळा कुशीक चित्रांग हरण शिकाऱ्याच्या जाळयांत पडिल्लें दिसलें. कावळो ताच्या म्हऱ्यांत गेलो त्या बरोबर चित्रांगाक

उमाळो आयलो. दोळयांत दुकां हाडून ताणें म्हळें, "हांव ह्या जाळयांत सांपडलां. तूं मेळ्ळो तें बरें जालें."

"तूं भियेवं नाका, हांव हिरण्यकाक घेवन येतां. तो तुजी रोखडीच सोडवणूक करतलो. संकटाक धिरान तोंड दिवंक जाय. भियेवन वचचें न्हय," इतलें म्हणून कावळो जो उडलो तो आपणाल्या इश्टां म्हऱ्यांत आयलो. ताणें तांकां सगळी गजाल सांगली आनी शिकाऱ्याचें जाळें तोडपाक हिरण्यक हुंदराची गरज आसा म्हूण सांगलें. कावळयान हुंदराक फाटीर बसयलो आनी बेग्गीन उडत तो शिकाऱ्याच्या जाळयांत पडिल्ल्या हरणा म्हऱ्यांत पावलो. हुंदरान पुट्टकरून उडकी मारली आनी आपल्या कामाक सुरवात केली. ताणें आपल्या दांतांनी जाळें तोडून उडयलें. आनी हरणाक मेकळो केलो. "कसो रे बाबा तूं ह्या जाळयांत फसलो?" हुंदरान विचारलें. "म्हजें कर्म, दुसरें कितें?" अशें तांचें उलोवणें जाता थंय आसा, इतल्यांत इश्टाचेर आयिल्ल्या संकटाचो हुस्को जाल्ल्यान कांसव येवन पावलो आनी एकदम सुकिल्या पानांनी सळसळ करून पावलांचो आवाज आयलो.

"शिकार करपी येतासो दिसता!" कावळो उडून झाडाचे तेंगशेर बसलो. हरण झाडांनी वचून लिपलें. हुंदरान मेळटा त्या बिळांत रिगून घेतलें. ल्हवू ल्हवू चलपी कांसवाची फजेत जाली.

शिकार करप्यान जाळें पळयलें. हरण काय ना. जाळयाच्यो वादऱ्यो जाल्ल्यो. "प्राड पडूं!" ताणें म्हळें आनी भोंवतणी नदर मारली. ताका कांसव दिश्टी पडलो. सोबीत बऱ्या कट्ट्याचो व्हडलो कांसव. ताणें वेळ करिनासतना कांसवाक धरलो आनी पोतयेंत घालो. "हरण ना जाल्यार ना, कांसव पूण गावलो. आयच्या सांजेच्या जेवणाक उपकरा पडटलो!"

कावळो वयल्यान सगळें पळयतालो. ताणें हरणाक आनी हुंदराक कितें जालां तें सांगलें. "आमचो इश्ट कांसव संकटांत सांपडला. तो शिकाऱ्याचे पोतयेंत पडला आनी सांज जाता म्हणसर ताच्या आयदनांत पडटलो."

"कितें उपाय करुंया?" हुंदरान विचारलें.

"पोतयेक बुराक करूंक तुज्या दांतांचो उपेग कर." कावळयान म्हळें.

"तें कशें शक्य आसा? पोती शिकाऱ्याच्या हातांत आसा न्हय!" हुंदरान म्हळें.

हरणाक युक्त सुचली. ताणें म्हळें, "हांव मुखार वचून तण खायत रावतां. शिकारी म्हाका पळयनाफुडें हातांतली पोती सकयल दवरून म्हाका धरपाक धांवतलो. तेन्ना तूं बेगीन वचून पोतयेक बुराक कर आनी कांसवाक सोडय."

"शिकाऱ्यान तुका धरल्यार कितें करप?" हुंदरान



म्हळें.

"ताची चिंता तूं करूं नाका. हांव कितें करचें तें पळयतां." हरणान म्हळें आनी तें मुखार वचून तण वाडिल्लें थंय चरत रावलें. शिकाऱ्यान ताका पळयलें आनी भुल्लुसून ताणें पोती सकयल दवरली आनी तो हरणा फाटल्यान गेलो. हरणान व्हडली उडकी मारली आनी तें मुखार गेलें. शिकारी ताच्या फाटल्यान धांवलो. परतें हरण उडकी मारून मुखार गेलें. परतून शिकारी ताचे फाटल्यान धांवलो. अशें कांय वेळ चालू आशिल्लें. निमाणेकडेन शिकारी आपणाली पोती सोदूंक गेलो. पोती हातांत घे जाल्यार तिका व्हडलो बुराक दिसलो. ती रिकामी आशिल्ली आनी कांसवाचो पत्तो नाशिल्लो. "म्हजें नशिबूच खोटें! पयलीं हरण जाळयांतल्यान सुटलें आनी आतां कांसव पसार जालो. पाड पडूं!" ताणें पोती थंयच उडयली आनी तो चलूंक लागलो.

हरणाचें आनी कांसवाचें नशीब बरें आशिल्लें. जिवावयल्या संकटांतल्यान तांची सुटका जाल्ली. आनी तांच्या इश्टांक खोस जाल्ली.

चौगूयजाण परतून एकठांय आयले आनी खोशयेन हांसत-खेळत तळयासरीं गेले.

❄

ओरिएंट लाँगमनचीं पुस्तकां:

- देखदिण्यो काणयो
- वावटळ आनी हेर काणयो
- आलिबाबा आनी हेर काणयो
- जादूची बाग आनी हेर काणयो
- आयकात काणयो देवांच्यो आनी मनशांच्योः १
- आयकात काणयो देवांच्यो आनी मनशांच्योः २

ओरिएंट लाँगमन

Dekdinyo Kanyo (Konkani)
Tales and Fables (Konkani)
ISBN 81 250 0227 8

Rs. 14.0